Panaji National
18th May 2026
08:40 am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्विडनचे प्रधानमंत्री उल्फ क्रिस्टरसन हांचे वांगडा शिष्टमंडळ पांवड्याचेर चर्चा केली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी पांच देशांच्या भोंवडेच्या चवथ्या टप्प्यांत, आयज नॉर्वेक पावतले.

ज्येष्ठ काँग्रेस फुडारी व्ही. डी. सतीशन आज सकाळीं केरळाचे मुख्यमंत्री म्हूण सोपूत घेतले.

नैऋत्य मॉन्सून 1 जून ह्या सदच्या  तारखे परस स दीस आदीं म्हळ्यार 26 मे दिसा  केरळांत पावपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत, काल  दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान राजस्थान रॉयल्स पंगडाक पाच गड्यांनी हारयले.

PM
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गोथनबर्ग हांगा स्विडनचे प्रधानमंत्री उल्फ क्रिस्टरसन हांचे वांगडा शिष्टमंडळ पांवड्याचेर चर्चा केली. प्रतिनिधी मंडळ पांवड्यावेल्या उलोवपांत दोनूय फुडाऱ्यांनी भारत-स्वीडन संबंदांच्या सगळ्या आंगांचो नियाळ घेतलो. वेपार आनी गुंतवणूक, तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माण, हरित संक्रमण, अवकाश, उदयोन्मुख तंत्रज्ञान, संरक्षण आनी सुरक्षा, ल्हान आनी मध्यम उद्देग, संशोधन आनी लोकां मदीं संबंद घटमूट करप हांचेर चर्चा जाली.

PM Norway
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी पांच देशांच्या भोंवडेच्या चवथ्या टप्प्यांत, आयज नॉर्वेक पावतले. प्रधान मंत्री मोदींची ही पहिलीच नॉर्वे भेट आसतली. फाटल्या ४३ वर्सांत

नॉर्वेक भेट दिवपी मोदी हे पहिलेच भारतीय प्रधानमंत्री आसात. या भेटीत मोदी तिसऱ्या भारत-नॉर्डिक शिखर परिशद आनी द्विपक्षीय बसकांनी वांटो घेतले.

PM Netherlands

दोन दिसांच्या नेदर्लंड्स भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी हाणी आपल्या डच सम्पदस्ता कडेन द्विपक्षीय उलोवणी केली. संरक्षण, गंभीर खनिजां आनी हेर मुखेल क्षेत्रांत सहकार्य घटमूट करपा खातीर दोनूय देशांनी 17 कबलाती केल्यो.

Amit Shah

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह हाणी काल गुजरातांतल्या गांधीनगरांत 700 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगतीच्या कामांचें उक्तावण केले आनी बुन्यादी फातर घालो. राज्याच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आशिल्ल्या शाह हांणी गांधीनगर महानगरपालिकेच्या ६०० कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या प्रकल्पांचे उक्तावण केलें. तांणी शारांत सुमारास १२८ कोटी रुपया खर्चून बांदिल्ल्या 'मधुर डेअरी'च्या नव्या दूध प्रक्रिया प्रकल्पाचें लेगीत उद्घाटन केलें.

त्या आदी तांणी 'नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ डिझाइनात (NID) 'इनोव्हेशन अँड इनक्युबेशन सेंटराचें' उक्तावण केलें. हया वेळार उलयताना शाह हांणी नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ डिझायनाचे म्हत्व अधोरेखित केलें. ही संस्था सृजनशीलतायेक उद्योजकते कडेन जोडपी एक माध्यम आसा अशे तांणी सांगले.

केंद्रीय गृह आणि सहकार मंत्री अमित शाह हाणी AI आणि Deep Tech हे भविष्यातल्या अर्थव्यवस्थेचे मुख्य आधारस्तंभ आशिल्ल्याचे म्हळां. गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांत तांणी काल ‘मिलियन माइंड्स टेक पार्क-फेज 1’ आनी ‘ग्रेमी सिटी कॅम्पस’ हांचें उक्तावण केले त्या वेळार ते उलयताले.

Kerala

काँग्रेस फुडारी व्ही. डी. सतीशन आयज केरळचे मुख्य मंत्री म्हणून सोपूत घेतले. केरळचे राज्यपाल राजेंद्र विश्वनाथ आर्लेकर आयज सकाळीं १० वरांचेर तिरुवनंतपुरमांत जावपा आशिल्ल्या एका सुवाळ्यांत तांकां पद आनी गोपनीयतेचो

सोपूत दितले.  सतीशन हांणी आयज जावपा आशिल्ल्या सोपूत विधी सुवाळ्या पयलीं, काल सांजवेळार २१ वांगड्यांच्या युनायटेड डेमोक्रॅटिक फ्रंट (UDF) मंत्रीमंडळाची वळेरी जाहीर केली.

Gujarat LPG
अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाच्या फाटभुयेर  20 हजार मेट्रीक टन एलपीजी घेवन येवपी  जहाज होर्मुझ सामुद्रधुनी हुंपून गुजरातांतल्या कंदला बंदरांत पावलां. कतारांतल्यान भायर सरिल्लें मार्शल जुंव्यांचे ध्वज आशिल्लें एमवी एस वाई एम आई हें जहाजान  13 मे दिसा होर्मुझ सामुद्रधुनी हुंपली. शेनवारा रातीं सुमार 11:30 वरांचेर हें जहाज कंडला बंदराचेर पावलें.

Railway
अस्तंत मध्य रेल्वेन तिरुवनंतपुरम सेंट्रल-हजरत निजामुद्दीन राजधानी एक्सप्रेसाचेर जाल्ल्या उज्याच्या घडणुकेची चवकशी करपा खातीर उंचेल्या पांवड्यावेली चवकशी समिती स्थापन केल्या. रेल्वेच्या प्रवासी डब्यांत आनी लगेज ब्रेक आनी जनरेटर कोचात उजो लागलो. लुनी रिच्छा आनी विक्रमगढ आलोट स्टेशनां मदीं ही घडणूक घडली. निर्धारित वेळा भितर चौकशी पुराय करपाचे आदेश समितीक दिल्यात अशें भारतीय रेल्वेन सांगलां. रेल्वे प्रमाण, फुडारांत असल्यो घडणुको परत जावचो न्हय म्हूण ही समिती अपघाताचीं कारणां, तांत्रिक गजाली आनी सुरक्षेच्या मानकांची खोलायेन चौकशी करतली. प्रवाशांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर आपूण बांधील आसा आनी हे दिकेन गरजेची सगळी पावलां उबारता अशें भारतीय रेल्वेन सांगलें.

Gadkari
केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी काल महाराष्ट्रांत जाल्ले "नागपूर जल संवाद" राष्ट्रीय परिशदेंत वांटो घेतलो. हातूंत उदक संवर्धना वरवीं विदर्भांतल्या शेतकारांक लाब मेळोवन दिवपाचेर खाशेली चर्चा जाली. गडकरी हांणी सांगलें, उदक संवर्धना खातीर जनभागीदारी खूब गरजेची आसा. हे परिशदेंत

देशभरांतले तज्ञ आनी समाजीक वावुरप्यांनी वांटो घेतिल्लो. तशेंच आयज नागपूरांत "जल क्रांती सम्मेलन" जातलें. हातूंत नट आमीर खान, नाना पाटेकर, आनी मकरंद अनासपुरे मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावतले.

Trump

राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी तेहरानाक नवी शिटकावणी दिल्या उपरांत अमेरिका आनी इराण मदलो तणाव परतून एक फावट वाडला आनी अस्तंत आशियांत कीतल्याशाच म्हयने आशिल्ल्या अशांतताये उपरांत युरेनियम सांठो, निर्बंधांमधी सूट आनी झुजाक लागून जाल्ल्या नुकसानाची भरपाय ह्या सारख्या मुद्या वेल्यान वाटाघाटी थांबल्यात.

सोशल मिडियाचेर केल्ल्या एका पोस्टांत ट्रम्पान म्हळें, वेळ सोंपत चल्ला आनी ताणीं तेहरानक बेगीन एका कराराच्या diken पावल घालपाचो उलो मारला.
इराणी माध्यमांनी वाटाघाटी पुपरतून सुरू करपा खातीर साठी वॉशिंग्टनचो मुखेल अटी उघड उपरांत काय वरांच्या भितरच अमेरिकेच्या राष्ट्राध्यक्षांचें हें खर वक्तव्य आयलें.

इराणी प्रसारमाध्यमांच्या खबरा प्रमाण, अमेरिकेची मागणी आसा की, इराणन ४०० किलोग्राम संवर्धित युरेनियम अमेरिकेच्या स्वाधीन करचे आणि फकत एकच अणुऊर्जा केंद्र चालू दवरचो. तशेंच इराणान झुजाची लुकसाण भरपायेची मागणी फाटीं घेवाची आनी जप्त केल्ली चडशी इराणी मालमत्ता गोठयल्ली स्थितीत उरतली ही बाब मान्य करची अशें अमेरिकेची अपेक्षा आसा.

मजगतीं, इराणान ह्यो अटी न्हयकारल्यात आनी परतून उलोवणी सुरू करपा खातीर आपल्यो अटी थारायल्यात.

IMD

26 मे मेरेन नैऋत्य monsoon केरळांत पावपाची शक्यताय आसा, अशें हवामान खात्यान सांगलां. हवामान खात्यान म्हळें की, येता ते दोन ते तीन दिसांनी नैऋत्य

monsoon आग्नेय अरबी समुद्र, नैऋत्य आनी आग्नेय बंगालची खाडी, अंदमान जुंव्यांचेर आनी अंदमान दर्याचे उरिल्ले वाठार, तशेंच उदेंत-मध्य बंगालच्या खाडीच्या कांय भागांनी फुडें वचपा खातीर परिस्थिती अनुकूल आसा.

IPL

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत, काल राती दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान राजस्थान रॉयल्स पंगडाक पाच गड्यांनी हारयले.
दुसऱ्या एका खेळांत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून काल सांजवेळा धरमशालात पंजाब किंग्साक २३ धांवड्यांनी हरयलें. ह्या जैता बरोबरच, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू प्ले-ऑफ खातीर पात्र जावपी पयलो पंगड थारलो. आयज चेन्नयच्या एम.ए. चिदंबरम स्टेडियमात सनरायझर्स हैदराबाद आनी चेन्नई सुपर किंग्स पंगडामदी सांजे ७.३०क खेळ जातलो.
ही आसा एक कळोवणी ….

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी- इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीर योग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा.

अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.